# एसटी विद्यार्थ्यां खातीर गगन भरारी शिक्षा येवजण

ता. 10 जानेवारी 2025

आदिवासी कल्याण खात्यावतीन अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यांक अर्थीक मजत दिवपा खातीर गगन भरारी शिक्ष येवजणेची अंमलबजावणी करपात येता. हे येवजणेचो लाव घेवपा खातीर खात्यान अनुसूचीत जमातीतल्या (एसटी) विद्यार्थ्यां कडल्यान 15 जानेवारी 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज मागयल्यात.

हे येवजणे खाला अनुसूचीत जमातीतल्या विद्यार्थ्यांक जेवण आनी प्रवास खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. तशेंच अनुसूचीत जमातीतल्या दिव्यांग विद्यार्थ्यांक खर्चा खातीर अतिरिक्त अर्थीक मजत दितात. गोंय राज्यांतल्या अनुसूचीत जमाती समाजांतले विद्यार्थ्यी, जांच्या कुटुंबाची वर्सुकीं येणावळ पाच लाख रूपया (Rs.5,00000/-) परस चड ना आनी मान्यताप्राप्त संस्थेत मॅट्रीक उपरांतच्या अभ्यासक्रमात शिकतात, अशें विद्यार्थी हे येवजणेचो लाव घेवपाक पात्र आसात. तशेंच विद्यार्थ्यी नियमीत आनी पुर्ण वेळ विद्यार्थ्यी आसपाक जाय.

हे येवजणे खाला डे-स्कॉलरां खातीर दिवपात येवपी अतिरिक्त देखभाल भत्तो 750/- रूपयां वयल्यान म्हयन्याक 900/- रूपया केला. हॉस्टेलांत रावपी विद्यार्थ्यांचो भत्तो 1,500/- रूपया वयल्यान म्हयन्याक 1,800/- रूपया केला आनी अतिरिक्त दिव्यांग भत्तो 750/- रूपया वयल्यान म्हयन्याक 900/- रूपया केला. 2024-2025 शालेय वर्सा खातीर अर्ज केल्या सगल्यां पात्र विद्यार्थ्यांक वाडिव भत्त्याचो फायदो मेळटलो. शालेय वर्सात 10 म्हयन्यां खातीर शिश्यवृत्ती दितात.

येवजणे खातीरची पात्रताय, नेम, अटी आनी हेर म्हायती https://tribalwelfare.goa.gov.in/ चेर उपलब्ध आसा. विद्यार्थ्यांनी https://cmscholarship.goa.gov.in ह्या मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोटला वयल्यान अर्ज करचे. अर्ज धाडपाची निमाणी तारीख 15 जानेवारी 2025 आसा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/39

--

-----------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.